वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय

कोंब मडगांव गोंय

पयली सत्र परीक्षा ऑक्टोबर २०२४

यत्ताः अकरावी | विशयः कोंकणी | वेळः ३ वरां

तारीखः २४|१०|२०२४ | गुणः ८०

---

सुचवण्योः

1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरु करची .
2. प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गुण धरचे.
5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

विभाग 'अ' (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. विज्ञान पद्दत म्हळयार किते? 1
2. चली भुरगें शिकले जाल्यार कोण शिकता? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. तुज्या ...... श्वाव घेवंक 2
दितलो मरे तुजो..... ?
(सॉफ्टवेअर , मनाचो, काळजाचो , पासवर्ड)

4. जय ...... व्हांवता 2
हिमालय..... उबो रावता
(वयर, गंगा, यमुना, ऊंच)

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| (i) बावीस एके बावीस | . १६ एप्रील १८५३ | 1 |
| (ii) फुटबॉल | . गजानन जोग | 1 |
| (iii) पयली पॅसेंजर आगगाडी | . १६ मार्च १८५५ | 1 |
| | . शिस्त लायता | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयातः 3

6. आवयचे वात्सल्य देवाचे कृपेपरस चड जड अशें कवीक कित्याक दिसता?

वा

व्हड जातकच पुताचे वागणुकेंत जाल्ल्या बदलाचे वर्णन कवयित्री कशें करता?

7. देशांतल्या लोकांनी कशें आसपाक जाय अशें कवी म्हणटा ? 3

वा

कॉंक्रिटाच्या रानांत खंयच्यो गजाली कवीक दिसता?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयातः

8. सदाक शाळेक धाडचे न्हय अशें येशाक कित्याक दिसता? 4

वा

बुद्दीबळाचो खेळ खेळटना भुरग्यांक कसले शिक्षण मेळटा?

9. विज्ञानीक नदर आयजूय आमी आपणावक ना है कित्यावयल्यान कळटा? 4

वा

रविना 'यदा कर्तव्य आहे' ही नोटीस कित्याक पिजून उडयता ?

सकयल दिल्ल्या पद्यांशांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. देशाच्या नांवाचेर व्हावयतात
हांगा आपलो घाम
वीर पुतांनो देशाच्या
तुमका म्हजो सलाम
वा
हांगा चवथ ना,दसरो ना
दिवाळी ना!
पुण नरकासूर मात पावला पावलाक
नाचतना दिसतात.

सकयल दिल्ल्या विधानांचो संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. " आरे शाक व्हर तुजे गरे पायया."

वा

" मम्मा म्हाका कांयच सांगू नाका. भाऊकय हे कायदे लागू कर आनी मागीरच म्हाका सांग"

<u>विभाग 'ब' (व्याकरण )</u>

सकयल दिल्ली वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12. तें कशेंच जांव नज. ( प्रस्नार्थी करात) 1

13. दरवटयांक (खिळो) लायिल्ली चिमणी ताणे काडली. 1
(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

14. पेंवत पेंवत वाग कस्तुर्या म्हर्त्यात आयलो. ( <u>भविश्यकाळांत करात</u>) 1

15. लोकांनी जनावरांक ओडून व्हेल्ल्यो गाडयो पळयिल्ल्यो. (न्हयकारी करात) 1

वा

नव्या विचारांक समजून घेशात?. ( <u>आज्ञार्थी करात</u> )

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाकप्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16. बुध्दीबळ खेळांत <u>तकली वापरची</u> पडटा. 1

17. आयज वेधशाळेन पावस पडपाचो <u>अदमास काडलो</u>. 1
( तडफडप, बुध्द लडोवप, तिडक येवप ,अनुमान काडप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

18. सशक्त 1

19. समज 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. रान 1

21. भारत 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामा करात.

22. अज्ञान 1
23. शाणे 1
24. सोबीत 1

सकयल दिल्ल्या ओपारीचो अर्थ बरयात.

25. मेल्ले म्हशीक बारा शेर दूद 1
26. नाचूक कळना जाल्यार आंगण वांकडे. 1
27. सवाय खाण पोटफुगे 1
वा
उमश्या कळशार उदक

सकयल कवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो ते रुप रित्या सुवातींनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

( बरोवप, मागप, घेवप, उसळप, करप, जावप )

28. मनांतल्या मनांत ताणे...... वागान न्हंयच्या उदकांत उडी ..... एकादो दोंगराचो कडो कोसळिल्लेवरी आवाज जालो आनी उदक वयर ..... अर्धांग वायूचो धक्को आयिल्ले वरी कस्तुऱ्याची अवतिकाय.....

29. 'घरचे खाण आरोग्याक बरें' ह्या विशयाचेर आवय /चल्या मदी जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. "तुमच्या सरस्वती उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'तियात्र महोत्सव' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

कोंकणी लोकवेद भांडारांत कोंकणी लोककाणयांचे खूब मोटे दालन आसा. ह्यो काणयो भुरग्यांकच न्हय तर जाण्ट्यांकय भूल घालतात.भुरग्यांच्या मिती शिक्षणाचे माध्यम म्हण एका काळार जाण्टी भुरग्यांक काणी सांगपाक लागली. भुरगीं काणयो आयकतना तल्लीन जाताली.काणी आवडना वा आयकली ना असो मनीस संवसारांत मेळप कठीण.
आज समाज जिणेंत काणयांचे आदले म्हत्व उरिल्ले ना. नव्या शिक्षणाच्या आनी मनोरंजनाच्या साधनांनी, माध्यमांनी लोकांच्या जिणेंतले काणयांचे म्हत्व उणे केला, पुण ते पुरायेन ना जाल्ले ना हेवय तितकेंच खरें. लोककाणयो आज नव्या रुपांत नव्या माध्यमां वरवीं वाचकां मुखार येतात. अभ्यासक ताचेकडे समाजीक आनी सांस्कृतीक साधन म्हण पळयतात. तांची वेगवेगळी रुपां सोदून काडून तांचो खोलायेन अभ्यास करतात.

प्रस्न:

31. जाण्टी भुरग्यांक कसले माध्यम म्हण काणी सांगताली? 1
32. संवसारांत कसलो मनीस मेळप कठीण? 1
33. लोकांच्या जिणेंतले लोककाणयांचे म्हत्व कोणे उणे केला? 1
34. अभ्यासक लोककाणयेंकडेन कसले साधन म्हण पळयतात? 1
35. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. रिया/रमेश रायकर, घर नं.१०२ , मारों, काणकोण, गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
| --- |
| संगीत शिक्षक (Music Teacher)<br>शिक्षणीक पात्रताय: संगीत शास्त्राची पदवी<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सायत अर्ज करात<br>संपर्क: वेवस्थापक<br>सेंट पिटर उच्च माध्यमिक विद्यालय<br>केंपे गोंय. |

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

- एका रस्त्याची आपजीण
- सैम आमची जीण
- शेणत चलिल्लें मनीसपण
- परिक्षाच नाशिल्ल्यो जाल्यार

******************